आकाशवाणी पणजीच्या

राष्ट्रीय खबरो

Date : २१/02/2026 6.30 PM

भारत आनी ब्राझीलान आयज नवी दिल्लींत डिजिटल भागीदारी, दुर्मिळ खनिजां, सूक्ष्म लघू आनी मध्यम उद्देग आनी दर्यादेगेवेल्या वाठारांनी सहकार्य अशा वेगवेगळ्या मळार जायत्यो कबलाती केल्यात. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी ब्राझीलाचो अध्यक्ष लुईझ इनासिओ लुला दा सिल्वा हांचे मदीं द्विपक्षीय उलोवणी जाली. हे बसकेंत दोनूय फुडाऱ्यांनी द्विपक्षीय संबंदांचो नियाळ घेतलो.प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आपल्या संयुक्त निवेदनांत राष्ट्राध्यक्ष लुलाच्या फुडारपणाखाल भारत-ब्राझील संबंद घट जाल्यात अशें सांगलां.

हाचे आदीं राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी राष्ट्रपती भवनांत अध्यक्ष लुला दा सिल्वा हांका औपचारीक येवकार दिलो. मजगती विदेश मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हाणी नवी दिल्लीत ब्राझीलचे अध्यक्ष लुईझ इनासिओ लुला दा सिल्वा हांची भेट घेतली. दोनूय देशां मदली रणनिती भागीदारी मुखार व्हरपा ताणी खातीर ब्राझीलाच अध्यक्षचे उपकार मानले. आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी वांगडा जाल्ले बसकेक लागून दोनूय देशांच्या संबंदाक नवी गती मेळटली असो विस्वास ताणी उक्तायला.

उपराष्ट्रपती सी.पी. राधाकृष्णन हाणी कॉर्पोरेट सोशल रिस्पांसिबिलिटी म्हळ्यार सीएसआर आतां फकत वेवसायीक धोरण न्हय तर राष्ट्रीय उदरगतीचो केंद्रबिंदू जालां अशें म्हणलां. ते आयज नवी दिल्लींत जाल्ल्या राष्ट्रीय सीएसआर शिखर सभेंत उलयतलें. भौशीक शिक्षण वेवस्था , मुळावी भलायकी सेवा घटमूट करपाक आनी कुशळटाय उदरगतीक उद्देगां कडेन जोडपाक सीएसआर परिवर्तनकारी भुमिका करूंक शकता अशें तांणी मुखार म्हणला.

केंद्रीय घरमंत्री अमित शाहा हाणी आयज आसामांतल्या कामरूप मेट्रो जिल्हयांतल्या कचुटोलीत धावे आसाम पुलीस बटालियनाच्या नव्या कॅम्पसाचो बुन्यादी फातर घालो. फुडल्या पांच वर्सांत आसाम भारताचें उद्देगीक केंद्र जातलें अशे ताणी सांगलें.ताचे पयली ताणी केंद्रीय राखीव पुलीस दळाच्या 87व्या स्थापणूक दिसाच्या कर्यावलीत वाटो घेतलो. सीआरपीएफान देशाची अतुलनीय सेवा केल्या अशे ताणी सांगलें.

इंडिया एआय इम्पॅक्ट समिटांत जायते तंत्रीक उपाय सादर केल्यात अशें इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी म्हायती तंत्रज्ञान मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलें. एआय शिखर सभे खातीर तरणाट्यां मदीं व्हड उमेद आसा अशे ताणी सांगले . तशेच शिखर सभेच्या स्थळार कॉंग्रेसीच्या कार्यकर्त्यांनी केल्ल्या निशेधांखातीर ताणी खंत परगटाल्या मजगती सगळो संवसार भारताचे प्रगतीची तोखणाय करता आसतना कॉंग्रेस पक्ष देशाची बदनामी करपाचो सतत यत्न करता अशें केंद्रीय मंत्री किरेन रिजिजून हाणी सांगलें.

पांचवी गोंय दर्यावेली परिशद आयज बेतीवेरेच्या नेव्हल वॉर कॉलेजींत जाली. नौदलाचे मुखेल एडमिरल दिनेश के त्रिपाठी हाणी उक्तावण करतना दर्यामळार सहकार्याचे महत्त्व अधोरेखित केले .तशेच आयओएस सागर 2.0 बेगीन सुरू जातले अशें ताणी सांगलें.भारतीय नौदलाच्या फुडारपणा खाला जाल्ल्या ह्या उपक्रमाक फळादीक परिणाम मेळटलो असो विस्वासताणी उक्तायला. हिंद म्हासागराच्या वाठारांतल्या दर्यावेल्या आव्हानांक तोंड दिवपासयत आनी गतीशील धोके उणे करपाचे यत्नचेर ह्या परिशद भर दिला तशेच ड्रग्ज तस्करी, मानवी तस्करी सुरक्षा धोके , बेकायदेशीर नुस्तेंमारी आनी दर्यावेल्या सुरक्षेविशीं शेजारच्या देशांमदीं चड समन्वयाची गरजचेर भर दिला .

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां सकाळी इकरा वरांचेर आकाशवाणीच्या ‘मन की बात’ कार्यावळींतल्यान देशवासियान कडेन आपले विचार मांडतले. . आकाशवाणी आनी दूरदर्शनाचे पुराय नेटवर्क, AIR न्यूज वेबसायट आनी न्यूज ऑन एयर मोबायल अप्पाचेर ही कार्यावळ प्रसारीत जातली . आकाशवाणीचेर हिंदी प्रसारणा उपरांत रोखडीच प्रादेशिक भाशांनी ही कार्यावळ प्रसारीत जातली.

भारतीय हवामान खात्यान फुडल्या तीन दिसांत देशाच्या मध्य आनी वायव्य वाठारांत चडांत चड तापमान ल्हव ल्हव 2 ते 3 अंश सेल्सियस वाडटलें असो अदमास उक्तायला .

आयसीसी टी-20 संसारिक करंड वस्तादपण सर्तींत सांजवेळा 7 वरांचेर कोलंबोच्या आर प्रेमदासा मैदानार न्यूझीलंड पाकिस्तान पांगडा आड खेळटलो. मजगतीं, भारत फाल्यां अहमदाबादच्या नरेंद्र मोदी स्टे मैदानार दक्षिण आफ्रिके आड सुपर 8 मोहीम सुरू करतलो.

इतल्यान ह्या राष्ट्रीय खबरो सोपल्या. आमचे फुडले तुमका आयकुक मेळटले फाल्या सकाळी आठ जावण चाळीस मिंनटाचेर -